१7/०१/२०२५ @ ७. २०

आकाशवाणी पणजीच्या

प्रादेशिक खबरा

मुखेल खबरो

१. गोंय हे फुडारात robotics आनी coding मळावेले देशातले एक उच्च शिक्षित राज्य जातले असो विस्वास मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी उक्तायला

२. केपेच्या आदिवासी संघटनेन १८ आणि १९ जानेवारीक आदिवासी उत्सवाचे आयोजन केला

३. साळ न्हंयेत जेटी उबारपाचो एकूय प्रस्ताव गोंय सरकारा मुखार आयिल्ला ना असो खुलासो बंदर आनी कप्तान खात्याचे मंत्री आलेक्स सिक्वेरा हांणी केला

-------

RASHMI

गोंय हे फुडारात robotics आनी coding मळावेले देशातले एक उच्च शिक्षित राज्य जातले असो विस्वास मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी उक्तायला.ते CARES research product launch आनी विद्यार्थ्यांका बक्षीस वाटपाच्या कार्यावळीत उलयताले. गोंयच्या 442 शाळांनी coding आनी robotic शिक्षण सध्या दीतात.ह्या मळावेले नाविन्याचो ध्यास घेयत विद्यार्थी बरे प्रोजेक्ट आता करपाक

लागल्यात ,हांतुल्यान तांच्या robotic आनी coding विशयावीशीच्या कल्पकतेचो आनी गिन्याचो अणभव येता.robotic आनी coding शिकपी गोयच्या विद्यार्थ्यांनी पुणे,बंगळुरु, चेन्नय,मुंबयच्या विद्यार्थ्यांक लेगीत फाटी घाला अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान म्हळा.तशेंच फुडल्या दोन वर्सा उपरांत अभियांत्रीकी महाविद्यालयातले एकुय सीट खाली उरचे ना असो विस्वास तांणी ह्यावेळार व्यक्त केला.

समाजाच्या निमाण्या पावंड्यावयल्या वर्गाक लेगीत न्याय मेळपाची गरज आसा आनी अशा विभागाक हो न्याय मेळचो हे खातीर न्यायवेवस्थेंतल्या दरेकल्यान आपलें कर्तव्य समजून तेविशीं यत्न करपाची गरज आसा अशें मत महाराष्ट्र आनी गोवा बार कौन्सिलचे अध्यक्ष ॲड. संग्राम देसाय हांणी उक्तायलें.

दक्षिण गोंय न्यायालयीन सेवा प्राधिकरण आनी कोंकण रेल्वे म्हामंडळाच्या आदारान आयज मडगांवच्या कारे लॉ कॉलेजीन संयुक्तपणान न्याय यात्रा मोहीम सुरू केली. ह्या कार्यावळीचें उक्तावण ॲड. देसाय हांणी केले. ह्या वेळार दक्षिण गोंय न्याय सेवा प्राधिकरणाच्याे सचिव न्या.सारिका फळदेसाय, भारताचे पालवी सहाय्यक सॉलिसिटर जनरल ॲड. प्रवीण फळदेसाय, विद्या विकास मंडळाचे अध्यक्ष नितीन कुंकळयेकार आनी दक्षिण गोंय वकील संघटनेचे अध्यक्ष ॲड. प्रसाद नायक हाजीर आशिल्ले. ह्या निमतान मडगांवच्या कोंकण रेल्वे स्टेशनाचेर एक खाशेली जागृती कार्यावळ आयोजीत केल्ली.

SUSHANT

ह्या वेळार उलयतना न्याय सेवा प्राधिकरणाच्यो जिल्लो सचीव न्या. सारिका फळदेसाय हांणी दक्षिण गोंय न्याय सेवा प्राधिकरणान गरजवंतांक फुकट कायदेशीर सल्लो दिवपा खातीर मडगांव सत्र न्यायालयांत एक कचेरी उबारल्या आनी थंय वकिलांचे पॅनेल कायमचे स्थापन करून लोकांक कायदेशीर मजत मेळोवन दितात अशें सांगलें. ह्या कार्यावळीक मडगावचे पुलीस उपअधीक्षक सिद्धान्त शिरोडकार हेय हाजीर आशिल्ले. नितीन कुंकळयेकार हाणी सगळ्यांक येवकार दिलो. रूबी लुईस हाणी उपकार मानले.

Mahesh sir

मानदीक प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला स्टार्ट अप्सान्क ऊरबा दिवपाक सुरवात जाली. पुराय देशभरात उद्देजकानी हाचेवरवी आपले स्टार्ट अप्स सुरु केल्यात. आजच्या खबरा पत्रात आयकूया गोयच्या स्टार्ट अप्स उद्देगीक मळा वेल्या TECHXCL ची खबर (ऑडिओ)

Sushant

केपेच्या आदिवासी संघटनेन फाल्यां आणि परां म्हणजेच १८ आणि १९ जानेवारीक अशे दोन दिस कपेला भाट दियांव ह्या सुवातेर आदिवासी उत्सवाचे आयोजन केला. फाल्यां दनपरां ३ वरांचेर समाजकल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हांचे हस्तुकीं ह्या उत्सवाचे उक्तावण जातले. कुडचडेचे आमदार निलेश काब्राल हेय त्यावेळार हाजीर आसतले. अशी

म्हायती संघटनेचे अध्यक्ष जॉन फर्नांडिस हांणी आयज घेतिल्ल्या पत्रकार परिशदेत दिली. ह्या उत्सवात आदिवासी लोकानाच, आयुर्वेदीक वखदां, पारंपारिक खेळ, आदिवासी कापडां हांची दालनां मांडटले. तसेच वेगवेगळ्या पारंपारिक खेळांचे आनी सर्तींचो ह्या उत्सवात आस्पाव आसतलो अशी म्हायती तांणी दिली.

ह्या उत्सवात १९ जानेवारीक सांजवेळा ३ वरांचेर लोक उत्सवाची कार्यावळ जावपाची आसून मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत तसेच कला आनी संस्कृती मंत्री गोविंद गावडे हे हाजीर आसतले. तर सांजवेळा ५ वरांचेर जावपी समारापाच्या सुवाळ्याक सभापती रमेश तवडकर तसेच आमदार एल्टन डिकॉस्ता आनी आमदार आंतान वाझ हाजीर आसतले.

Ganesh

पेडणेचे आदले आमदार परशुराम कोटकार हे शुक्रारा संवसाराक अंतरले. तांचे कुडीचेर दनपारा निमणे संस्कार जालें. 1994 वर्सा पेडणे मतदारसंघातल्यान महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्षाच्या उमेदवारीचेर ते जैतिवंत जाल्ले. 1999 वर्सा पेडणे मतदारसंघात मगोचे उमेदवार आसताना ते पराभूत जाले. ते मगोचे निष्टावान वावुरपी आसले. तांचे मरणाचेर मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, वीजमंत्री सुदिन ढवळीकार, आदले केंद्रीय मंत्री ॲड. रमाकांत खलप हांणी दुख उक्तायला.

Sushant

साळ न्हंयेत चार सुवातींनी जेटी बांदतले अशी भिरांत ह्या आदी कांय जणांनी उक्तायल्या. मात हे खबरेत कसलेच तथ्य ना. साळ न्हंयेत जेटी उबारपाचो एकूय प्रस्ताव गोंय सरकारा मुखार आयिल्ला ना असो खुलासो बंदर आनी कप्तान खात्याचे मंत्री आलेक्स सिक्वेरा हांणी मडगावच्या माथानी साल्ढाणा प्रशासकीय संकुलात सिक्वेरा हे आयज लोकांच्ये अडचणी आयकून घेवपाखातीर आयिल्लेकडे केलो. कांयजाण बेठेच फटीच्यो खबऱ्यो पातळायतात अशें तांणी सांगलें. मडगावच्या भलायकी केंद्राच्या दुरुस्तीचे काम कांय कारणांखातीर बंद पडिल्ले हे काम २१ जानेवारीसावन परत सुरु करतले, माथानी साल्ढाणा प्रशासकीय संकुलातली प्रसाधन घरां पुरायेन दुरुस्त जाल्यात अशीय म्हायती तांणी दिली.

आयज सिक्वेरा हांची भेट घेवपाक केळशी पंचायतीचे सरपंच डिक्सन वाझ आनी हेर वांगडी आयिल्ले. केळशी वाठारांतले साळ न्हंयेच्या देगेवयले बांद बांदून काडपासंदर्भात तांणी चर्चा केली. हे काम राखडेच हातात घेतले अशें उतर सिक्वेरा हांणी ह्या शिश्टमंडळाक दिले.

Sushant

गोंयच्या आराध्य दैवतामदले एक दैवत आशिल्ल्या श्रीदेव रुद्रेश्वरची रथयात्रा सध्या गोंयभर सुरु जाल्या. आयज ही रथयात्रा मडगावां

पावली. मडगावच्या श्री दामोदर लिंग देवळासामकार मडगावच्या भाविकांनी ह्या यात्रेक येवकार दिला.

ह्यावेळार मडगावचे आमदार दिगंबर कामत, नावेलीचे आमदार उल्हास तुयेकार, फातोड्डेचे आमदार दामोदर नायक तसेच नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार हे आनी हेर नगरसेवक हाजीर आशिल्ले.

ह्यावेळार उलयताना मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांणी गोंयभरात ह्या यात्रेक बरो प्रतिसाद मेळ्ळा. गोंयच्या सगल्या लोकांचे कल्याण जावचे अशी मागणी आपणे देव रुद्रेश्वराकडेन केली अशें सांगलें. जाल्यार ही यात्रा सामाजिक एकचार वाडचो ह्या उद्देशान काडल्या आनी लोकांचो प्रतिसाद हे यात्रेक उपाट फावो जाला अशी प्रतिक्रिया आदले आमदार दामोदर नायक हांणी उक्तायली.मडगावच्या वेगवेगळ्या देवळांक आयज ह्या रथयात्रेन भेट दिली. आनी कुंकळ्ळे गेली. उपरांत ही रथयात्रा काणकोणां पावतली.

Subhash

नवे वस्तू संग्रहालय तयार करपाक अर्थीक मजत दिवपा खातीर आनी सद्याच्या संग्रहालयांच्या वेवसायीक उदरगतीक आदार दिवपा खातीर गोवा सरकारान संग्रहालयांक अर्थीक मजतीची येवजण सुरू केल्या. तातूंत निधी मेळोवपाक पात्र आशिल्ल्या संग्रहालयांची दोन गटांत विभागणी केल्या. नव्या सुविधांची स्थापणूक करपाक अर्थीक आदार सोदपी संग्रहालयां खातीर नवे संग्रहालय' गट १ आनी अर्थीकआदार

घेवपी सद्याचे संग्रहालय गट २ अशी ही विभागणी आसा. आपली मुळावी बांदावळ, संग्रह आनी संवर्धन विकसीत करपाक आनी वाडोवपाक मदत सोदपी संग्रहालयां ह्या येवजणे खातीर अर्ज करूंक पात्र आसात. अर्थीक मजत मेळपा खातीर वर्सुकी वापर प्रमाणपत्र आनी लेखापरीक्षित लेखा विवरण सादर करचें पडटलें. तशेंच अनुदान मेळ्ळ्या उपरांत संबंदीत संस्थेन पांच वर्सां मेरेन संग्रहालयाच्या कार्यावळींचो आनी कृतीचो अहवाल सरकाराक दिवचो पडटलो. ह्या येवजणे खाला नव्या संग्रहालयां खातीर ५ लाख रुपया मेरेन आनी सद्याच्या संग्रहालयांच्या उदरगत प्रकल्पां खातीर ५ लाख रुपया मेरेन अर्थीक मजत मेळूं येता. ही मजत एकदांच मेळपी अनुदान आसून, सादर केल्ल्या प्रस्तावांच्या गुणवत्तेचेर आदारीत मान्यताय घेवची पडटली

Prasad

दक्षिण गोंयच्या सोरोप धरपी लोकां खातीर , सोरोप चाबपाचो उपाय आनी पयलो प्रतिसाद दिवपी प्रशिक्षण कार्यावळ आनी सुरक्षीत सोरोप आनी जनावरांची हाताळणी आनी बचाव पद्दती कार्यशाळा आज फर्मागुडी फोंडाच्या राजारामआणि ताराबाई बांदेकर फार्मसी महाविद्यालयात जाली. ही कर्यावळ गोवा शिपयार्डच्या जोडपालवान लायन्स क्लब ऑफ फोंडा हानी घडोवन हाडील्ली, कर्यावळीचे उक्तावण सुवळ्याक फोंडाचे आदले नगराध्यक्ष आणि नगरसेवक रीतेश रवी नाईक मुखेल सोयरे म्हूण हाजिर आशिले, तर खाशेलें सोयरे म्हूण उत्तर गोयचे उपवनपाल जिस वरकी हाजिर अशिले,ह्या वेळार माच्येर गोंय शिपयार्डाचे मुखेल वैजकी अधिकारी डॉ वेदपाल तारी, लायन्स

क्लबाचे अध्यक्ष मनीष धरेश्र्वर, प्रक्षिषक बेनील अंताव, अमृत सिंह आणि हेर मानेस्त हाजिर आशिले. आपत्कालीन परिस्थितीत आपल्या बरोबर हेरांची कशी मजत करची ह्या विषयचेर जिस वरकी हानी उलोवप केले. रितेश नाईक हानी आपल्या उलोवपात फोंडाचे लायन्स क्लब तरेकवार सामाजिक उपयोगी कार्यक्रम नियमित पणान घोडवन हाडता अशें म्हळे.

DIP

आधार कार्ड रेशन कार्डाक जोडपाक 31 मार्च 2025 मेरेन मुजत वाडयल्या. नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान आधार कार्ड रेशन कार्डाक लिंक करूक नाशिल्ल्या सगळ्यां पात्र रेशन कार्ड धारकांक 31 मार्च मेरेन आपले आधार कार्ड रेशन कार्डाक जोडपाची विनंती केल्या. अशां रेशन कार्डधारकांनी आपले आधारकार्ड संबंदीत तालुक्यातल्या नागरी पुरवण कार्यालयांत सुपुर्द करचे. 31 मार्च मेरेन आपले आधार कार्ड रेशन कार्डाक जोडूक नाशिल्ल्यांची नावां रेशन कार्ड तपशीलातल्यान वगळतली आनी वगळायिल्ली नावां परत घालपा खातीर योग्य कारण दिवचे पडटले अशे खात्यान कळीत केला.

Rajashri –सरदेसाय

डॉ मनोहरराय हे तेजस्वी प्रतिभेचे कवी आशिल्ले आनी तांणी रचिल्लीं बालगितां सांसणाचीं अज्रवर जावन उरल्यांत अशें साहित्य अकादेमी जैतिवंत साहित्यीक आनी अनुवादक मुकेश थळी हांणी सांगलें.-ते काल फर्मागुडयेर जीव्हीएम संस्थेच्या गोपाळ गोविंद पै रायतूरकार वाणिज्य

म्हाविद्यालयांत घडोवन - हाडिल्ले कार्यावळींत उलयताले. मनोहरराय सरदेसाय हांचें साहित्य ह्या विशयाचेर तांचें व्याख्यान जालें. जनमत कौल दिसाचें म्हत्व भुरग्यांक पटोवन दितना मनोहरबाबान ह्या चळवळींत काव्य आनी गीत रचना करून जें मोलाचें योगदान दिलें ताची याद थळी हाणी केली. ह्या काळांत तांणी रामगीता रचली आनी विलीनीकरण वाद्यांक आमी खंयच कमी नात हाची जाप दिली अशें मुकेश थळी हांणी सांगलें.

कोंकणी चळवळींत तशेंच कोंकणी विश्वकोश विभागांत तांच्या मार्गदर्शना खाला काम करतना मनोहरबाबाचे सादेपण, मनीसपणचो अणभव थळी हांणी सांगलो . व्हीएमचे अध्यक्ष कृष्णा शेटये प्राचार्य तिवतोना वाझ, डॉ. स्मिता संझगिरी हांचींया उलोवपां जालीं.

आनी आता खबरो सोपोवचे पयली काय मुखेल खबरो

आनी ईतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें फालया सकाळी सात वरा पंचवीस मिनटांचेर. नमस्कार